# खासदार सदानंद शेट तानावडे हांची गोवा पॅव्हेलियनाक भेट

ता. 18 नोव्हेंबर 2025

खासदार सदानंद शेट तानावडे हांणी आयज  नवी दिल्लीत भारत आंतरराष्ट्रीय वेपार मेळाव्यातल्या गोवा पॅव्हेलियनला भेट दिली.

श्री तानावडे हे खाते संबंदीत संसदीय वाणिज्य स्थायी समितीचे (DRPSC) वांगडी आसून  ते आंतरराष्ट्रीय वेपार मेळाव्याचे  आयोजक आशिल्ल्या  इंडिया ट्रेड प्रमोशन ऑर्गनायझेशन (ITPO) चो  नियाळ घेवपा खातीर समितीच्या हेर वांगड्या सयत भारत आंतरराष्ट्रीय वेपार मेळावो-2025  क भेट दिली. तांणी ह्या वेळार खास करून गोवा पॅव्हेलियनाक भेट दिवन गोंयचे कारांगिर आनी कलाकारांच्या प्रदर्शनाची तोखणाय केली.

भारत मंडपात श्री तानावडे हांका म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्याचे सहाय्यक माहिती अधिकारी श्री शांतो नाईक आनी माहिती सहाय्यक श्री सिद्धेश सामंत हांणी येवकार दिलो. आयआयटीएफ प्रदर्शनात विकपा खातीर दवरिल्ल्या विविध हस्तकला वस्तूंची उत्सुकतायेन पळोवणी करतना  श्री तानावडे हांणी गोंयचो समृद्ध सांस्कृतिक वारसो आनी  अन्न संस्कृतीची तोखणाय करतना गोंयच्या ह्या संस्कृतीची संवसारभर वळख आशिल्ल्याचे सांगून सांस्कृतिक कलाकार आनी कारागिरांकडेन संवाद साधलो आनी तांचे अभिनंदन केले.

म्हा /सप/    / विगां/ 2025/885

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.